**Regional news Panaji Goa**

**CM Janata darbar**

पणजी : मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आपले भलायकी विशीं पातळिल्ल्या सगल्या वावड्यांक पुर्णविराम दिला. आयज ते परत जनतेचे सेवे खातीर हाजीर रावले. पुण्याक रुबी हॉल क्लिनिकांत गरजेचे वैजकी उपचार आनी तपासण्यो पुराय करून मुख्यमंत्री काल रातीं उसरां गोंयांत परतले. विसव घेवपाचे सुवातेर तांणी आयज सकाळींच आपल्या सांखळे मतदारसंघांतल्या रवींद्र भवनांत आयोजीत 'जनता दरबार'त हाजेरी लायली. ह्या वेळार तांणी थळाव्या नागरिकांच्यो समस्या जाणून घेतल्यो आनी तांचे कडेन संवाद सादलो.

खाजगी कामा निमतान पुणे दौऱ्याचेर आसतना मुख्यमंत्र्यांक अचकीत भलायकेचो त्रास जाणवपाक लागिल्ल्यान तांकां बिरेस्तारा बेगोबेग हॉस्पिटलांत दाखल केले. डॉ. समीर शर्मा आनी नामनेचे काळजा रोग तज्ज्ञ डॉ. पुरवेझ ग्रांट हांच्या मार्गदर्शना खाला तांचेर विवीध वैजकी तपासण्यो केल्यो. राष्ट्रीय पांवड्यार कांय प्रसारमाध्यमांनी मुख्यमंत्र्यांचेर अँजिओप्लास्टी जाल्ल्याची बातमी दिल्ली, मात हॉस्पिटल प्रशासन आनी मुख्यमंत्री डॉ. सावंत हांणी हे खबरेक न्हयकारली. ही फकत एक 'नेमान भलायकी तपासणी' आशिल्ली आनी सगले वैजकी अहवाल सामान्य आयल्यात, अशें तांणी स्पश्ट केलें. खंयचेय तरेची शस्त्रक्रिया जावंक नाशिल्ल्याचो व्हिडिओय हॉस्पिटलान जारी करून स्पश्टीकरण दिल्लें.

मजगतीं, १९ मार्चाक मुख्यमंत्रीपदाचीं सात वर्सां येसस्वीपणान पुराय करपी डॉ. सावंत हांणी गोंयांत परततांच कामाचो ताबो घेतलो. सोशल मिडियांत तांचे भलायकी विशीं सुरू आशिल्ल्या चर्चांक आयच्या जनता दरबारांत पूर्णविराम दिलो. म्हजी भलायकी आतां बरी आसा. काळजी करपाचें कसलेंच कारण ना, असो विस्वास तांणी ह्या वेळार जनतेक दिलो.

**Ponda election-**

फोंडा पोटवेंचणुके खातीर उमेदवारी अर्ज भरपाच्या निमणे दिसा फाल्या सोमारा भाजपाचे उमेदवार रितेश नायक आनी काँग्रेसीचे डॉ. केतन भाटीकार हे उमेदवारी

अर्ज दाखल करतले. उमेदवारी अर्ज भरताना गर्दी जावची न्हय म्हूण वेंचणूक आयोगान काय निर्बंद घातिल्यान उमेदवारांक अर्ज भरताना शक्ती प्रदर्शन करपाक मेळचे ना.फोंडा मतदारसंघात पोटवेंचणुके खातीर 9 एप्रिलाक मतदान जातलें आनी 4 मेयाक मतमेजणी जातली. वेंचणूक आयोगा कडल्यान 15 मार्चाक वेंचणुकेची तारीख जाहीर जाली आसली तरी ते पयली सावन इत्सुकांनी प्रचाराक सुरवात केल्या. भाजपाचे उमेदवार रितेश नायक, काँग्रेसीचे डॉ. केतन भाटीकार आनी आपाचे गीतेश नायक हांचो प्रचार नेटान सुरू आसा. उमेदवार उबो करी नासताना काँग्रेस उमेदवाराक तेको दिवपाचो निर्णय आरजी पक्षान घेतला. हाका लागून पोटवेंचणूक तिरंगी जातली, हे स्पश्ट जालां.

**No shortage fuel**

देशभरांत गरजेच्या इंधनाची उणीव ना, तेल शुध्दीकरण कारखाने चड क्षमतेन चलतात आनी पेट्रोल आनी डिझेलाचो फावो तो सांठो उपलब्ध आसा अशें सरकारान आश्वासन दिलां. किरकोळ विक्री दुकानांनी कसलोच उणाव दिसूंक ना. पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्रालयान दिल्ल्या निवेदनांत देशांतल्या एलपीजी सिलिंडरांची डिलिव्हरी सुरळीत आसा आनी पॅनिक बुकींग उणी जाल्या अशें सांगलां. राज्यांक व्यावसायिक एलपीजीचें वाटप वाडयलां, शिक्षणीक संस्था आनी हॉस्पिटलां सयत मुखेल क्षेत्रांक प्राधान्य दिलां अशें तातूंत म्हणलां. तशेंच राज्यांक घरगुती आनी वेवसायीक वापरा खातीर नव्या पीएनजी जोडणीं सुविधा दिवपाचो सल्लो राज्ज्याक दिला. एलपीजी जमा करप आनी काळ्या विपणनाचेर आळाबंदा हाडपा खातीर राज्यांनी आनी केंद्रशासीत प्रदेशांनी धाडी चालू आसात अशें मंत्रालयान सांगलां.

मजगतीं, दर्यातलो वेपार चालूच उरपा खातीर जहाज येरादारी, बंदर वेव्हार आनी भारतीय दर्यावेल्यांच्या सुरक्षेचेर बारीकसाणेन नदर दवरतात अशें बंदर, जहाज आनी उदकामार्ग मंत्रालयान सांगलां. ५४७ खलाशां सयत फाटल्या 24 वरांत 13 खलाशांक सुरक्षीतपणान परतून हाडल्यात अशें तातूंत नोंद केलां.

आखाती आनी अस्तंत आशिया वाठारांतल्या घडामोडींचो बारीकसाणेन नदर दवरता, भारतीय नागरिकांची सुरक्षीतताय आनी कल्याण हांचेर लक्ष केंद्रीत केलां अशें परराश्ट्र मंत्रालयान सांगलां.

**Election commission**

वेचणूक आयोगान मतदानाच्या दिसा दरेक मतदान केंद्रात उण्यांत उणी सुविधा असल्याची खात्री करपाचे राज्यांच्या आनी केंद्र शासित प्रदेशांच्या मुखेल वेंचणूक अधिकाऱ्यांक निर्देश दिल्यात. पिवपाचें उदक, प्रतीक्षा कक्ष सुवातेकडेन सावळी आस्पक जाय. उदकाची सुविधा आशिल्लो शौचालय, फावो तसो उजवाड, विशेश मतदारांक योग्य रॅम्प, प्रमाणीत मतदान जागा, आनी योग्य फलक आसपावपाक जाय अशें आयोगान सांगला. मतदारांक वेंचणूक वळेरेंत आपलो मतदान केंद्र क्रमांक आनी सिरियल क्रमांक सोदून काडपाक मजत करपा खातीर दरेका मतदान केंद्राच्या सुवातेर मतदार मजत बूथ स्थापन करपाचो निर्देश आयोगान दिला. मतदारांच्या सोयी खातीर मतदान केंद्राच्या प्रवेशदारा भायर मतदारांक मोबायल फोन जमा करपाची सुविधा दीवची अशे आयोगान सांगला.

**PM modi**

देशांतल्या राजकारणांत सगळ्यांत चड काळ वेंचून आयिल्ल्या सरकाराचो मुखेली जावन प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी भारतीय राजकारणांत ऐतिहासिक टप्पो गाठला. हाचे वांगडाच मोदीन 8,930 दीस सिक्किमाचे मुख्यमंत्री म्हणून पदाचेर रावपी पवन कुमार चामलिंगाक फाटीं घाल्या. आतां तांणी गुजरातचो मुख्यमंत्री आनी प्रधानमंत्री म्हणून आपलो कार्यकाळ एकठांय करून 8,931 दीस सरकाराचो मुखेली म्हणून कार्यकाळ पुराय केला. आपल्या कारकिर्दीच्या काळांत मोदी हांणी जायते उल्लेखनीय विक्रम केल्यात, तातूंत गुजरातचो सगळ्यांत चड काळ मुख्यमंत्री आनी सीएम म्हणून सगळ्यांत चड काळ पयलींचो अणभव आशिल्लो प्रधानमंत्री असोय आसा. तशेंच स्वातंत्र्या उपरांत जल्मल्लो भारताचो पयलो प्रधानमंत्री आनी 2014, 2019 आनी 2024 वर्सा सलग तीन लोकसभा वेंचणुकांनी ते जैत जोडपी व्यक्ती आसात. मोदी

हांणी पयलेच खेपे 7 ऑक्टोबर 2001 दिसा गुजराताचे मुख्यमंत्री म्हणून पदभार सांबाळ्ळो आनी 21 मे 2014 मेरेन ते मुख्यमंत्री पदार आसले. राष्ट्रीय राजकारणांत वचचे पयलीं 13 वर्सां परस चड काळ राज्याचें फुडारपण तानी केलें. ताणें 26 मे 2014 दिसा भारताचो 14वो प्रधानमंत्री म्हूण सोपूत घेतलो. तांनी दोन पुराय कार्यकाळ पुराय करून सलग तिसरे खेपे वेचून आयले.

**Russian oil**

रशियन कच्चें तेल व्हरपी एक्वा टायटन हें जहाज कर्नाटकांतल्या मंगळुरू शारांत पावलां. अस्तंत आशियांतल्या संघर्शा मदीं संवसारीक इंधनाचे दर स्थीर करपाच्या यत्नांत अमेरिकेन आयतारा तात्पुरतो सामान्य परवानो जारी करून दर्यांत पयलींच आडखून पडल्ल्या रशियन कच्च्या तेलाची विक्री करपाक परवानगी दिल्या उपरांत अशें जालां.

**Football goa 1**

लक्ष्मी प्रसाद स्पोर्ट्स क्लबाक 4-0 अशा गोल फरकांनी हारोवन आंबेली स्पोर्ट्स क्लबान गोंय फुटबॉल असोसिएशनाच्या 14 वर्सा पिराये सकयले चलयांचे अखील गोंय प्लॅ ऑफ मॅचीचे फायनलींत सुवात मेळयली. मॅच सिंकेटी खेळां संकुलाच्या मैदानाचेर जाली.

**Football goa 2**

गोंय फुटबॉल असोसिएशनाच्या पयले विभाग लीग मॅचींत यूथ क्लब मनोरान व्हायबीटी स्पोर्ट्स क्लबाक 2-0 असो हारायलो. मॅच नावेलीच्या रोझरी चर्चीच्या मैदानाचेर जाली. ऋत्विक साधुखान आनी जिग्यास देका हांणी एकेक गोल केलो.

**Weather Goa-**

भारतीय हवामान खात्यान फाल्यां मेरेन फुडल्या दोन ते तीन दिसांत कोंकण भागान आनी गोंयात उश्णताय वाढतली आनी दमट हवामानाची परिस्थिती आसतली असो

अदमास उक्तायला. हिमालय, अस्तंत बंगाल आनी सिक्किम भागान गडगड वीज आनी वादळी वरयाचो अदमास आसा. फाल्यां दर्यादेगेवेल्या आंध्र प्रदेश, हिमाचल प्रदेश, उत्तराखंड, ओडिशा, मध्य महाराष्ट्र, मराठवाडा भागान अशीच परिस्थिती आसपाची शक्यताय आसा.